

# आनन्द
# ANAND
## बालवाडी खातीर उद्वेग पुस्तक

not to be republished

विद्यया ऽमृतमश्नुते
एन सी ई आर टी
NCERT
राष्ट्रीय शैक्षिक अनुसंधान और प्रशिक्षण परिषद्
NATIONAL COUNCIL OF EDUCATIONAL RESEARCH AND TRAINING

**13246 – बालवाडी खातीर आनंद उद्वेग पुस्तक**

**ISBN 978-93-5292-403-5**

**पयली आवृत्ती**
*जानेवारी 2023 पौश 1944*

**PD 5T BS**

**© राश्ट्रीय शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशद**

**सगळे अधिकार राखीव:**

- प्रकाशकाच्या परवानगे बगर ह्या प्रकाशनाचो खंयचोच भाग हो परत तयार करूंक, साठोवंक वा ताचो हेर तरेन वा मार्गान जशें विज, यांत्रीक, फोटो काडून, रिकॉर्ड करून वापर करूंक मेळचो ना.
- हें पुस्तक विकपाक मेळचें ना अशी अट घालून वेपार, रिणां दिवप, परतून विकप, भाड्यान दिवप वा हेर तरेन विलो लावपाक मेळचें ना. प्रकाशकाच्या संमती शिवाय कसलेच बिगर परवानगी मार्गान पुस्तकाचो वापर करपाक मेळचो ना.
- ह्या पुस्तकाचें वट्ट मोल ह्या पानार दिल्लें आसा. रब्बर शिक्को वा स्टिकराचो वापर करुन लायिल्लें मोल हें योग्य न्हय आनी हें खपोवन घेवचे ना.

**संपादन विभाग कार्यालय,**
**राष्ट्रीय शिक्षण, संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशद**

एन.सी.ई.आर.टी संकूल
श्री औरोबिंदो मार्ग
**नवी दिल्ली 110016** **Phone : 011-26562708**

108, 100 फूट रोड
होस्डकेरे हल्ली ऍक्सटॅनशन
बाणाशंकरी स्टेज III
**बेंगलुरू 560085** **Phone : 080-26725740**

नवजिवन संस्था
पि. ओ. नवजिवन
**अहमदाबाद 380 014** **Phone : 079-27541446**

सी.डब्लू.सी संकूल
धनकल बस स्थानकाच्या सामकार
पानिहती
**कोलकाता 700 114** **Phone : 033-25530454**

सी.डब्लू.सी संकूल
मालीगांव
**गुहवाटी 781021** **Phone : 0361-2674869**

**₹ 160.00**

*एन.सी.ई.आर.ट च्या चिन्ना सयत 80 GSM पेपराचेर प्रिंट केलां.*

हें पुस्तक राश्ट्रीय शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशदेचे सचीव हांणी श्री औरोबिंदो मार्ग, नवी दिल्ली 110016 हांगाच्या प्रकाशन विभागांत प्रकाशीत केलां.

**प्रकाशन मंडळ**

| | |
|---|---|
| प्रकाशन विभाग मुखेली | : अनूप कुमार राजपूत |
| मुखेल निर्माते अधिकारी | : अरुण चिकारा |
| मुखेल उद्वेग वेवस्थापक | : विपीन देवान |
| मुखेल संपादक बिजनन सुतार | : बिजनन सुतार |
| निर्मिती अधिकारी | : अतूल सक्सेना |

**मुखपृष्ठ**
राजीव पहुजा

© NCERT not to be republished

# हांव बालवाडींत वतलों

हां तर बालवाडींत वतलो,
आमी सगळे बालवाडींत वतले,
बालवाडी, बालवाडी, बालवाडी।
हो! हो! हो!

दप्तरूय ना,
पुस्तकांय ना,
मागीर कितें आसा तर?

साबार तरांचे खेळ आसात
दरेका खेळान शिकप आसा
अशी आमची बालवाडी
मजेन भरिल्ली बालवाडी
बालवाडी, बालवाडी, बालवाडी
हो! हो! हो!




© NCERT not to be republished

© NCERT
not to be republished

# प्रस्तावना

भारतांत भुरग्यांच्या घडणुकेच्या वर्सांत पोशण करपाची एक नामनेची आनी बरी व्याख्या केल्ली प्रक्रिया म्हणल्यार 'संस्कार' जी आमकां सगळ्यांक संवकळीची आसा. एके पिळगे कडल्यान दुसरे पिळगे कडेन वचपी प्रक्रियेंत पयल्या आठ वर्सांत भुरग्यांची फाव त्या प्रमाणांत जतनाय घेवप बऱ्याचें जाता जेणे करुन तांची वाड, वागणूक, क्षमताय सारक्या दरेका आंगाक उपरांतच्या वर्सांनी अनुकूल असो आकार दिवपाक आदार जाता.

ह्या वयाचें म्हत्व जाणा जावन घेवन राश्ट्रीय शिक्षणीक धोरण 2020 शालेय शिक्षणा भितर बुन्यादी शिक्षणाचीं पांच वर्सां (3-8 वयोगटांतलीं भुरगीं) दिवपाचेर भर दिता. देरका मनशाचें आयुश्यभरा खातीरचें शिक्षण, समाजीक आनी भावनीक वर्तन तशेंच एकंदर भलायकी ह्या शिक्षणीक पावंड्यार म्हत्वाची थारता. ते भायर भुरग्यांक साक्षरता, आंकडेजाण तशेंच तांच्या शारिरीक आनी बौध्दीक विकासाक आदार दिवपा खातीर तशेंच सृजनशील आनी सौंदर्य संवेदना अंतर्भूत करपा खातीर भुरग्यांक फाव त्या आदाराची गरज आसता. हें धोरण ह्या पावंड्या खातीर एकमेव राश्ट्रीय अभ्यासक्रम चौकट तयार करपाचें थारायता जी फक्त पुराय शिक्षण वेवस्थेक मुळाव्या पावंड्यार उच्च दर्ज्याचें शिक्षण दिवपा खातीर व्यापक मार्गदर्शन करीना, जाल्यार हाचे वरवीं शालेय शिक्षणाचो पावंडो मुखार व्हरपाकूय आदार जाता.

मुळाव्या पावंड्या खातीर राश्ट्रीय अभ्यासक्रम चौकट (NCFFC) भुरगेपणाची जतनाय आनी शिक्षण तशेंच भारतीय संस्कृतायेंत तशेंच मुल्ल्यां रुजोवपाची शिफारस करता. तशेंच भुरग्यांच्या अणभवांक गिन्यान, कुशळटाय आनी वृत्ती हांचे वांगडा एकठांय करपाचेर लक्ष केंद्रीत करता जी वृत्ती शाळेच्या परिसरांत विकसीत जाता. हाका लागून पुस्तकांतल्यान खेळ-मार्गा कडेन वचून शिकपाची प्रचलीत पध्दत आनी सक्षमतायेचेर आदारिल्ली शिकपाची पध्दत तयार जाता जंय तो वा ती कितें करता, तांचे कडेन सलग्नताय दवरतात आनी शिकता. हातूंत शिकता हेंच चड म्हत्वाचें थारता.

धोरणाच्या शिफारशी प्रमाण बुन्यादी पावंड्यावेलो अभ्यासक्रम हो पंचकोशी विकासाच्या संकल्पनात्मक बुन्यादीचेर (मनशाच्या व्यक्तीमत्वाचे पांच थर) आदारून आसा अशें तैवादात्मक तैत्तिरीय उपनिषदांत स्पश्ट केलां जो कृष्ण यजुर्वेदाच्या तैत्तिरीय स्महितेचो भाग आसा जाका लागून आत्मो साकार जावंक शकता. व्यक्ती हेंच जिणेचें निमाणें ध्येय मानता आनी भारताचें सुसंवादात्मक मिश्रण सुनिश्चीत करता. ह्या सगळ्याक लागून मनशाच्या समग्रतेच्या समकालीन नदरेक लागून मोगाळ संस्कृतायेची बुध्दी विकासाक पावता.

ह्या उपक्रमाचें जैत हें अंगणवाडी, शाळा तशेंच शिक्षणीक संस्था भुरग्यांक प्रोत्साहीत करपा खातीर कसले मार्ग उपकारायता हाचेर आदारून आसा. हें सगळें मेळवपा पासत छापील तशेंच इंटरनेटाच्या माध्यमातल्यान साबार शिकपाचीं आनी शिकोवपाचीं साधनां तयार केल्यांत. ह्या खातीर साबार संकेतथळांचो वापर लेगीत करप म्हत्वाचें आसा. आवय-बापायन लेगीत हें सगळें अंगणवाडी, शाळा आनी हेर संस्थांच्या आदारान चालीक लावपाक जाय.

अभ्यासक्रमाची मांडावळ वेगवेगळ्या तरेन सक्षम अश्या घटकांची वेवस्था करून शिकपाच्या पांच वर्सांत नियाळूंक येता अश्या साबार घटकांचो आदार घेतला. तशें करतना तांणी सामुग्रेच्या तणावा संबंदीत प्रस्नांचेर उपाय काडला. तांणी मुळाव्या शिकपाच्या वेगवेगळ्या पांवड्यार गिन्यान मेळोवपाच्या प्रक्रियेची परतून परतून पुनर्बांदणी केल्या. हो उध्देश साध्य करपा खातीर बाल मानसशास्त्राचेर अदीक म्हत्व दिवन आनी शिकपा आनी शिकोवपाच्या वेळाक लेगीत अदीक म्हत्व दिलां.

© NCERT not to be republished

बालवाटिकाच्या भुरग्यां खातीर तयार केल्लें हें क्रियाकलाप पुस्तक जतनाय घेवन तयार केलां जें एन.ई.पी 2020 च्या दृष्टीकोनांत सादी, मनोरंजक आनी आकर्शक पद्दतींत आसा. हे पुस्तक कार्यावळी समावेशक करपाचो यत्न केला आनी आमचीं समाजीक आनी संस्कृतीक मुळां सांबाळपी शिक्षकांक भुरग्यां मुखार ह्यो गजाली करपा खातीर आनी शिकपा खातीर साबार संदी निर्माण केल्यात. पुस्तकांतली कला आनी हस्तकला जाचे वरवीं शिक्षक भुरग्यांक जागृत करतात आनी कदर करपाक प्रेरीत करतात अशीं कार्यां ह्या सौंदर्यबोधक पुस्तकांत आसात. क्रियाकलाप पुस्तकांत परिस्थितीचीय म्हायती दिल्या जेणे करून मुळाव्या संकल्पनांचो स्वताच्या संदर्भांत अभ्यास करपाची जागृताय निर्माण जावची. हें कार्यावळ पुस्तक द्रव्यान भरपूर आसा.

वेगवेगळे अणभव दिवप, आनी खेळ-मार्ग पद्दती एकठांय करप खेळणीं आनी खेळां वरवीं शिकपाचो आनी हेर विंगड विंगड कार्यावळीं वांगडाच प्रस्न जे भुरग्यां मदीं विमर्शीक विचार करपाची आनी समस्या सोडोवपाची तांक तयार करपाक मार्गदर्शन करतात असल्या गजालींचो आस्पाव केला. ते भायर ह्या पुस्तकांत गिरेस्त विशय आनी भुरग्यांक स्वताची उदरगत करपाक मदत करपी कार्यावळी आसपावीत केल्यात. आमच्या पर्यावरणा कडेन संवेदनशील रावपाचीय तांक हें पुस्तक निर्माण करता. ह्यान भायर क्रियाकलाप पुस्तकांतय भरपूर म्हायती मेळटा. शिकपा-शिकोवपाच्या नदरेन आमच्या राज्यांक/शासीत केंद्रां खातीर एन.ई. पी 2020 च्या शिफारशी प्रमाण हें पुस्तक सामग्री तयार करपा खातीर आदार करूंक शकता.

हो मुळाव्या शिक्षणाचो अभ्यासक्रम तयार करपा खातीर स्थापन केल्ल्या समितीची एन.सी.ई.आर.टी तोखणाय करता. ह्या समितीचे अध्यक्ष प्रो. शशी काला वांजारी आनी हेर वांगडी जांणी हो प्रकल्प दिल्ल्या वेळा भितर पु राय करून तोखणायास्पद वावर केल्ल्या खातीर हांव सगळ्यांचो उपकारी आसा. तशेंच सगळ्यो संस्था आनी आस्थापनां जांणी ह्या वावरा खातीर पुरक असो आदार केला तांचेय उपकार. हांव खास रितीर दिनवासतां राश्ट्रीय सुचालन समितीचे अध्यक्ष  डॉ. के. कस्तूरीरंगन आनी हेर वांगडी, मॅन्डेट गट आनी पुनरावलोकन समितीचे वांगडी जांणी ह्या उपक्रमाक मोलादीक आनी भरीव असो आदार केलो.

भारतांतल्या शालेय शिक्षणांत सुधारणा हाडपाक प्रतिबध्द प्रतिबध्द आशिल्ली संस्था म्हूण तयार केल्ल्या शिकपाच्या आनी शिकोवपाच्या साहित्याच्या दर्ज्यांत सतत सुधारणा हाडपाक एन.सी.ई.आर.टी आपल्या सगळ्या भागधारकां कडल्यान समिक्षणात्मक अभिप्राय आनी सुचोवण्यांची आस्त बाळगून ह्या पाठ्यपुस्तकांत आनीक सुधारणा करतली.

27 फेब्रुवारी 2023
नवी दिल्ली

क, एनय(दिनेश प्रसाद सकलानी)
संचालक, एन.सी.ई.आर.टी

© NCERT
not to be republished

# विकास पंगड

**सल्लागार**

दिनेश प्रसाद सकलानी, संचालक, एन.सी.ई.आर.टी

**मार्गदर्शन**

शशिकला वांजरी, माजी कुलगुरू, एस.एन.डी.टी विद्यापीठ, मुंबय, महाराष्ट्र,

मुखेली, अभ्यासक्रम आनी पाठ्यपुस्तक निर्माण समिती

सुनिती सानवल, मुखेली, डी.ई.ई, एन.सी.ई.आर.टी, सभासद निमंत्रक, अभ्यासक्रम आनी पाठ्यपुस्तक निर्माण समिती

**सहायक**

रोमीला सोनी, सहयोगी प्राध्यापक, डी.ई.ई, एन.सी.ई.आर.टी

भारत ढोकाय, संचालक, विद्यापीठ, गांधीधाम-गुजरात.

दिव्यांन्शू भाय दवे, डी.जी आनी कुलगुरू, विद्यार्थी विद्यापीठ, गांधीनगर-गुजरात.

**परिक्षण करपी**

एम.सी. पंत, प्रोफेसर आनी कुलपती, एन.आय.ई.पी.ए, नवी दिल्ली.

सुनिती सन्वाल, मुखेली, डी.ई.ई, एन.सी.ई.आर.टी, सभासद निमंत्रक, अभ्यासक्रम आनी पाठ्यपुस्तक निर्माण समिती.

के. मयुरी, प्रोफेसर (निवृत्त), मानवी उदरगत आनी कुटूंब अभ्यास, समुदाय विज्ञान महाविद्यालय, पी.जे.टी.एस.ए.यू, हैद्राबाद.

रिटा सोनावत, माजी अधिश्ठाती, गृहविज्ञान विभाग, एस.एन.डी.टी महिला विद्यापीठ, मुंबय-महाराष्ट्र.

जोबी बालकृष्ण, माध्यमीक शिक्षक, केरळ.

अनूप राजपूत, मुखेली, प्रकाशन विभाग, एन.सी.ई.आर.टी

पद्मा यादव, प्रोफेसर, डी.ई.ई, एन.सी.ई.आर.टी

रंजना अरोरा. मुखेली, पाठ्यक्रम अभ्यास विभाग, एन.सी.ई.आर.टी

ज्योत्स्ना तिवारी, मुखेली, लिंगीक अभ्यास विभाग, एन.सी.ई.आर.टी

भारती कौशीक, सहयोगी प्राध्यापक आनी मुखेली, डी.आय.सी.टी आनी टी, सि.आय.ई.टी, एन.सी.ई.आर.टी

**वर्सुकी समन्वयक अधिकारी**

रोमीला सोनी, सहयोगी प्राध्यापक, डी.ई.ई, एन.सी.ई.आर.टी

© NCERT not to be republished

# उपकार

राश्ट्रीय शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशद राश्ट्रीय सुचालन समितीचे अध्यक्ष, हेर वांगडी तशेंच आज्ञापर गटाच्या वांगड्यांच्या मार्गदर्शना खातीर तशेंच आदारा खातीर उपकार मानता.

परिशद अभ्यासक्रम आनी एल.टी.एम समितीच्या अध्यक्षांचे तशेंच हेर वांगड्यांचे तांच्या सातत्त्यान मळपी आदारा पासत उपकार आठयता.

परिशद 'आनंद- भुरग्यां खातीरचें क्रियाकलाप पुस्तक' तयार करपा पासत सलवान भौशीक शाळेच्यो मुख्याध्यापिका मौशमी बोस आनी ज्युनीयर स्कूल,एच.डी.एफ.सी, गुरगांव शाळेच्यो समन्वयक मोनिका सिंग हांची उपकारी आसा.

तशेंच हें पुस्तक मान्य करपा पासत परिशद डी.ई.ई, एन.सी.ई.आर.टी ची वर्सुकी मार्गदर्शक दिक्षा दिवान आनी दिल्ली विद्यापिठांतलो संशोधक आनी इंटर्न अमनदीप कौर हांच्याय वावराची दखल घेता.

त्याच प्रमाण परिशद सचीत्र योजक राजीव पहुजा, चित्रकार मोहम्मद राकीब, सचीत्र योजक रुबीना अन्सारी, सचीत्र योजक, पेन्सील कलाकार सायना अंसारी, सहायक संपादक (एन. सी.ई.आर.टी) चंचल चौहान, डि.टी.पी ऑपरेटर (एन.सी.ई.आर.टी) सचीन तनवार, सचीत्र योजक (एन.सी.ई.आर.टी) विवेक मंडल, एल.डी.सी (डी.ई.ई, एन.सी.ई.आर.टी) चंचल रानी, टंकलेखक (डी.ई.ई, एन.सी.ई.आर.टी) अभिषेक पांडे, पवन कुमार, डि.टी.पी ऑपरेटर (डी. ई.ई, एन. सी.ई.आर.टी) हांच्याय मोलादीक योगदाना खातीर देव बरें करूं म्हणटा.

तशेंच प्रकाशन विभाग, राश्ट्रीय शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण परिशद हांचेंय काम तितलेंच म्हत्वाचें आसा आनी हाची दखल घेतात.

© NCERT not to be republished

# हे कार्यपत्रिके संदर्भांत

3 ते 8 वर्सां पिरायेच्या गटांतल्या भुरग्यांचो आस्पाव आशिल्ली मुळावी अवस्था सगळ्यांत चड म्हत्वाची आसा आनी तरणाटो मेंदू खंयच्याय मेंदवापरस नेटान ह्याच काळांत वाडीक लागता. मेंदवाची भलायकेन वाड जावपा खातीर भुरग्यांक सकारात्मक वातावरण तशेंच उदरगतीच्या सगळ्या क्षेत्रांक पुरवण करपी शिकपाचे अणभव आसप गरजेचे. सकारात्मक आनी नियोजीत अणभव ल्हान भुरग्यांच्या फुडाराक शिकपाक आदार करतात. तांची भलायकी, तांची वागणूक फुडल्या जिवितांत येस मेळोवप बुन्याद तयार करतले. दिसपट्टे अणभव ल्हान भुरग्याच्या अणभवाक तशेंच मेंदवाक आकार दितात. ‘आनंद' बालविटिके खातीर क्रियापुस्तकांत दिल्ले आदर्श (वट्ट ९२) हेंच चित्रीत करतात.

ह्या पांवड्यार भुरग्यांक शिकपाक मदत करपाचो सगळ्यांत बरो उपाय म्हणल्यार तांकां खेळाचेर आदारीत कार्यावळी करपाक दिवप. ‘सादे ते गुंतागुंतीचे’, ‘परिचित ते अपरिचित’ आनी ‘अमूर्त ते ठोस अणभव' अशें तांच्या पिराये प्रमाण आनी विकासाच्या पांवड्या प्रमाण करपाक जाय. शिक्षक आनी व्हडल्या लोकांची भुमिका पिराय आनी विकासात्मक नदरेन योग्य खेळा आदारीत कार्यावळी आनी अणभव दिवपाक गरजेची थारता. ही खऱ्या अणभवांच्या रुपांत आसतलीं आनी ताचे उपरांत कार्यपत्रकां आसतलीं. हीं उद्देशान नियोजीत केल्लीं कार्यपत्रकां भुरग्यांक वेगवेगळ्या गजालींची समजूत मेळोवपाक आदार करतलीं. क्षमताय मेळोवप आनी तांची मुळावी कुशळटाय घटमूट करप होच मुखेल उद्धेश आसतलो.

शिकपाक आनंद आसता तेन्ना भुरगो सगळ्यांत बरो शिकता. देखून स्वातंत्र्य मेळटा तेन्ना आनी खंयचेंय काम करतना भुरग्यांक लवचीकपण दवरप खूब म्हत्वाचें. बरी तयार केल्ली एकत्रीत बालवाटीके खातीरच्या कार्यपत्रकांक लागून भुरग्यांक सराव, चर्चा करून शिकपाची संद मेळटा. तातूंत ठोस अणभवांच्या वापराक चालना मेळटा (वापरचे पयलीं कार्यपत्रकां) आनी हेर गजाली वापरचे परस शिक्षकांच्या फुडारपणाखाला थळाव्यान उपलब्ध आशिल्ल्या साहित्याचो आनी सैमीक संसाधनांचो वापर करप. ह्या कार्यपत्रकांक लागून भुरग्यांक गिन्यान जोडपाची संद मेळटली वर्गांत शिकून घेतिल्ल्या संकल्पनां कडेन तांच्यो दृश्य यादी आनी तांचे कडल्या आदल्या अणभवां कडेन जोडपाक आदारभूत थारतलें.

भुरग्यांक संद मेळची म्हणून ग्रेड पातळेचे परिणाम दाखोवपा खातीर आनंदान शिकपा खातीर विंगड विंगड क्षमतेचीं आदर्श कार्यपत्रकां तयार केल्यांत. सुचयल्ले प्रमाण राष्ट्रीय शिक्षणीक धोरण 2020 वर्सा शिक्षणांत लक्ष केंद्रीत करचे खातीर फकत सामुग्री हस्तांतरीत करपा परस योग्यताय उदरगतीचेर आसपाक जाय. विमर्शीक विचार, समस्या वरवीं तरणाट्या मनांचें प्रस्न सोडोवप, संवाद कौशल्य, सृजनशीलता, सहानुभूती आदी विकसीत करप, तशेंच नेमान बुन्यादी साक्षरता आनी संख्याशास्त्र ही तासाची गरज आशिल्ली सुदारीत पद्दत वापरची पडटा. शिकप–शिकोवपाच्या साहित्याची रचना करप हेंय गरजेचें आसा. बुन्यादी शिक्षणा खातीर राष्ट्रीय अभ्यासक्रमाचो पावंडो (एन.सी.एफ-एफ.एस 2022) उदरगतीच्या सगळ्या क्षेत्रांक भितर घेवपाक व्हड म्हत्व दिता. देखून पुराय एकीकरण मुळाव्या स्वरुपांत दवरलां.

भुरग्यां खातीर अभ्यासक्रम तशेंच दृश्य चित्रां खातीर पंचकोश (एन.सी.एफ-एफ.एस वळेरेंत नोंद केल्ल्या प्रमाण) तयार केल्यात, जेणे करून शारिरीक विकास (Annamaya Kosha/ अन्नमय कोश), जिवीत उर्जा (Pranamaya Kosha/ प्राणमय कोश), मानसीक विकास (Manomaya Kosha/ मनोमय

© NCERT not to be republished

कोश), संज्ञानात्मक विकास (Vijnanamaya Kosha/विज्ञानमय कोश), भाग्य (Anandamaya Kosha/ आनन्दमय कोश) हें सगळें योग्य रितीन हाताळप जातलें.

ह्या कार्यपत्रिके वरवीं भुरग्यां खातीर शाळेची तयारी वाडटली आनी तांकां औपचारीक शाळेंत प्रवेश मेळोवपाक लागपी मुळावी भास आनी संज्ञानात्मक कुशळटाय हांची जाणविकाय जातली. सुगम संक्रमणा खातीर भुरग्यांनी आदींच कुशळटाय मेळोवप म्हत्वाचें आसा, जाका लागून तांकां पिराये प्रमाण कामां करपाक आदार जातलो. हीं कार्यपत्रकां विद्यार्थ्यांक आदार करतलीं. भुरग्यांक भलायकेक बरी अशी आनी सुरक्षीत संवय जावपाक, संवेदनात्मक धारणा वाडोवपाक, बरी आनी स्वास्थ भलायकी तयार करपाक, भावनीक बुध्दी, तार्कीक विचार आनी अभिव्यक्ती विकसीत करपाक कलेच्या माध्यमातल्यान ही कार्यपत्रिका आदार करतली.

ह्या कार्यपत्रकांक लागून भुरग्यां मदीं मोटर कौशल्य, तार्कीक विचार आनी स्वताच्या हातान गजाली शिकपाक मदत जातली. हें आदर्श कार्यपत्रक सक्षमतायेचेर आदारीत आसा (एन.सी.एफ-एफ.एस 2022 त दिल्ल्या प्रमाण) आनी पालक आनी शिक्षक सुचोवपी कल्पना आनी प्रस्नं भुरग्याक तांच्या समजुतीचें मुल्यांकन करपाक सांगूंक शकता.

**कार्यपत्रकां कशीं वापरचीं? (शिक्षकां खातीर/ वयस्करां खातीर)**

- बालवाटीका खातीर कार्यपत्रकां (सगल्या पांच डोमेनांक खाण दिवपी) वापरप्याक सहज कापूंक मेळटलीं अशे तरेन तयार केल्यात. कार्यपत्रकां कार्यावळ पुस्तकांतल्यान काडून उडोवंक मेळटात आनी उपरांत कागदाच्या पॅडांत दवरप शकतात जें शिक्षकांक/पालकांक मुल्यांकन करपाक मदत करतलें. हाका लागून भुरग्यांक काम करपाक आनी एकाच कार्यपत्रकाचेर लक्ष केंद्रीत करपाक मदत जातली आनी हेर कार्यपत्रक कार्यावळींनी गडबड जावची ना.
- वेगवेगळ्या क्षेत्रफळांचें समग्र शिक्षण सुनिश्चीत करपा खातीर तत्सम कार्यपत्रकां तयार करूं येतात.
- ही कार्यपत्रिका देख अशें मानून शिक्षकांनी हेर साबार कार्यपत्रिका तयार करपाक जातात. देखीक- दिल्लें कार्यपत्रकांत वस्तूंची संख्या, आकार बदलप आदी. गजाली उणें करून बदलूंक येता.
- जंय जंय सैमाच्यो संकल्पना वळख करून दिवप शक्य आसा, थंय थंय थळाव्या साधनसुविधांचो आनी साहित्याचो वापर करप. देखीक, कडेन नमुने तयार करप पानां, सुकयल्लीं फुलां, टणक आदी.
- तुमच्या प्रदेशा प्रमाण खरी/ठोस वस्तू, कथा आनी देखी वापरात आनी संदर्भांत हाडात. तांकां भुरग्याच्या जिविताकडेन संबंदीत करपाक लायात. देखीक- लोककथा, प्रादेशिक कथा/गीतां जोडप, जनावरांचेर कार्यपत्रक करचे पयलीं भुरग्यांक तांकां दिसपी जनावरांचेर विचारात. तांच्या भोंवतणी आशिल्लें प्राणीसंग्रहालय, तांच्या घरांतले पाळीव प्राणी आदी, जाका लागून भुरग्यांक चित्रां जोडप शक्य जाता आनी शिकपा वांगडा बरो अणभव मेळटा.
- कार्यावळीच्या निमाणे कडेन औपचारीक समीकरणात्मक मुल्यांकन करचे परस कार्यपत्रक शिक्षकाक भुरग्याच्या कामगिरीचें मुल्यांकन करपाक मदत करतलें. भुरग्यांक चर्चा करतना/ वर्गांत सादरीकरण करतना आनी शिकपाची वळख वळखूंक अंतर आनी तेच प्रमाण सुलभताय दिवप.
- सृजनशीलता आनी स्वातंत्र्य वाडोवप, संशोधन करपाक परवानगी दिवप, आनी हाताळणी अणभव कार्यपत्रकां करचे पयलीं भुरग्यांक संकल्पने भोंवतणी स्वताच्यो कल्पना तयार करपाक दिवच्यो. तशेंच दरेका भुरग्याक आपल्या गती प्रमाण काम करपाक दिवचें.
- परस्पर संवादात्मक वर्ग तयार करून समाजीक-भावनात्मक उदरगतीक चालना दिवप आनी भुरग्यां मदीं आनी शिक्षकां मदीं संवादांक शक्य तितली चालना दिवप.

© NCERT not to be republished

- भुरग्यां खातीर अनुकूल, कदर करपी आनी सकारात्मक उतरां वापरप जेणे करून तांकां कसलेच तरेचें दडपण येवचें न्हय. देखीक, भुरग्यांनी तयार केल्लीं चित्रां, वण्टीपत्रकां वर्गांतल्या वण्टींचेर, बालवाटीका वरांद्यांत आदी कडेन लावचीं.
- ह्या कार्यपत्रकांच्यो खाशेल्या भुरग्यां खातीर खाशेल्यो तरतुदी आनी सानुकूल आवृत्त्यो आसात हाची खात्री करात. भुरग्यांक बरोवपाचीं साधनां धरपाक आडखळ जाता, जाल्यार तांचे खातीर शिक्को वापरून बरोवपाची तजवीज करात, अपंगत्व आशिल्ल्या भुरग्यां खातीर चित्रांचें ऑडिओ वर्णन दियात आदी.
- भुरग्यांक सकारात्मक उदरगती खातीर आपलीं वस्तू थारायिल्ल्या सुवातेर दवरपाक प्रोत्साहन दिवप संवयी लायात. तशेंच, वापरिल्लीं वस्तू (रंग, ब्रश, ब्लॉक आदी) वापरून जाल्या उपरांत योग्य सुवातेर दवरपाक लायात.
- एकाच कार्यावळींतल्यान दुसऱ्या क्रियेच्या संक्रमण काळांत काव्य कडवीं आनी गितां परत परत करत रावचें आनी भुरग्यांक याद करीत रावात. तशेंच सुनिश्चीतता हाडपा खातीर नाच आनी कृती हांचो आंग घोळटें दवरप पासत आस्पाव करप शक्य आसल्यार हालचाली करतात.

हांगा दिल्ल्या कार्यपत्रकांचो हेतू म्हणल्यार शिक्षकांक/पालकांक कांय आदर्श कल्पना फाव करून दिवप आनी खंयच्याच प्रकारान कार्यपत्रिका पाठ्यपुस्तक म्हणून काम करीना. भुरग्यांच्या संदर्भाचेर आदारीत कार्यपत्रक तांच्या आवडी प्रमाण कल्पना करपाक, जोडपाक वा वगडावपाची मेकळीक दिता. घर आनी वर्गा मदीं संबंद जोडपाचो यत्न हे कार्यपत्रिके वरवीं केला आनी सगळ्यो क्रिया करता आसतना एक आनंदाचें वातावरण तिगतलें हाची जतनाय घेतल्या.

❄ ❄ ❄

© NCERT not to be republished




© NCERT not to be republished

# भुरग्यां खातीर कार्यपत्रिका

मुखार दिल्ल्यो गजाली ह्यो भुरग्यांक कार्यपत्रिकेचेर काम करता आसतना वापरपाक आसात. पूण भुरग्यांच्या गरजे आनी आवडी प्रमाण हातूंत बदल जांव येतात. दरेका कार्यपत्रिकेक एका पध्दती सयत शीम आसा. एकदां भुरग्यान ही कार्यपत्रिका तयार केली काय भुरग्याक शिमेवेलें सचीत्र पुराय करपाक प्रोत्साहीत करपाक जाता.



### क्रिया 1: म्हजी चित्र चौकट

भुरग्यांच्या तांच्या तोंडाच्या भागांची चित्रां काडून रंगोवपाक प्रोत्साहीत करात. उपरांत तांकां आदले तरेन आपलें चित्र काडून क्रेयॉन रंगानी रंगोवपाक सांगचें.

### क्रिया 2: म्हज्या बद्दल



भुरग्यांक तांच्या बद्दल तशेंच तांच्या घरच्यां बद्दल उलोवदी. दिल्ल्या जाग्या भितर तांच्या घरच्याचे फोटो तांकां लावपाक सांगात. उपरांत तांकां तांचो आवडटो रंग, आवडटी आकृतीदिल्ल्या जाग्यांत काडपाक प्रोत्साहीत करात. ही क्रिया करता आसतना भुरग्यांक 'हांव' म्हणुदी.

### क्रिया 3: स्वताक समजप



भुरग्यांक ते घरचोच एक भाग आशिल्ल्याची जाणीव करुन दियात, आनी दरेक मनीस घरांत वेगवेगळी भुमिता निभयता हे समजोवन सांगात. आपल्या घराचीं मुल्यां आनी परंपरा हाचे विशीं भुरग्यां कडेन चर्चा करात.

### क्रिया 4: म्हजी घरचीं आनी इश्ट



भुरग्यांक चित्र पळोवन ताचे भाश्य करुनी. देखीक, "ह्या चित्रान कितें जाता अशें तुमकां दिसता?" अशे प्रस्न विचारात. एकदां चित्र पळयल्या उपरांत तांका ताचेर विस्तारान उलोवनी. उपरांत भुरग्यांक कांय अदमासीक प्रस्न विचारात. देखीक, "तुमी तुमच्या आवय-बापाय सयत कोणागेर  वतात? जेन्ना तुमी तांगेर वतात तेन्ना तुमी तांकां कशे तरेन हडकीतात? कोणाच्या घरांत तुमकां सगळ्यांत चड वचपाक आवडटा? जर कोणेन तुमकां तुमची वळख कर म्हणली तुमी कशी  करतलीं, कितें म्हणटलीं? तुमकां तें चली सोयऱ्यांक कितें सांगता अशें दिसता?" आदी. तुमी अशेच

© NCERT not to be republished

तरेचो साबार विशयांवेलें चित्र वाचपी पत्रक तयार करपाक शकतात. चित्र वाचले उपरांत भुरग्यांक चित्रांत कितले सोयरे आसात, कितले लोक आसात तशेंच कोणें एकाच सारके कपडे घाल्यात हें मेजपाक लायात.



### क्रिया 5: एक सारकी वस्तू सोदात

भुरग्यांनी दरेका पंगतीतल्यो वस्तू वळखून तांचीं नावां सांगचीं. उपरांत दावे वटेंनच्या बॉक्सांत आशिल्लें योग्य चित्र वळखून तें चित्र रंगोवपाक लायात. टिपक्यांच्यो वळी तेच तरेचो रंग घेवन रंगयात.



### क्रिया 6: पक्षी पुराय करात

कार्यपत्रीकेंत एका पक्षाचें चित्र आसा. भुरग्यांनी ते टिपके जुळोवन तो पक्षी पुराय करुन रंगोवनी. ना जाल्यार त्या आकाराचें कात्रण कापून चिकटोवनी. तांका पक्षाचें नांव घेतना येवपी आवाज (पss) काडपाक प्रोत्साहीत करात आनी तांणी भोंवतणी पळयल्ल्या पक्षांचीं नावां सांगपाक लायात.



### क्रिया 7: म्हज्यो पांच इंद्रिया

दरेका पंगतींत आशिल्ली गजाल भुरग्यांक वळखूंक लायात आनी उजवे वटेन आशिल्ल्या इंद्रियांच्या चित्रा सयत जुळोवंक लायात. तांकां इंद्रियांचेर उलोवपाक प्रोत्साहीत करात आनी ताचेर आदारीत खंयचीय चारोळी तांकां म्हणून दाखयात.



### क्रिया 8: म्हाका आनी म्हज्या शाळेक नितळ दवरप

स्वताची तशेंच आपल्या भोंवतणची काळजी घेतल्यार जंतू, किटाणू सावन मुक्त उरतात आनी सगळें सुंदर दिसता ही गजाल भुरग्यांक पटोवन दियात. वर्गांत तशेंच शाळेंत कशें निवळ आनी वेवस्थीत आसपाक जाय हें तांचे कडेन उलयात. भुरग्यांक सकयल दिल्ल्या दोन वस्तूं मदल्यो आंग आनी शाळा निवळ करपाच्यो वस्तू वळखुपाक लायात.

© NCERT not to be republished



## क्रिया 9: म्हज्या भोंवतणचीं जनावरां आनी पक्षी

'मैं तो सो रही थी' ही कविता हावभावां सयत भुरग्यां मुखार सादर करात. भुरग्यांक जनावरां आनी पक्षांचीं नांवां सांगून तांचे आवाज काडपाक लायात आनी कविता मुखार व्हरात. सोपेपणान फाव जावपी सामानाच्या आदारान भुरग्यांक जनावरां आनी पक्षांचीं फ्लॅशकार्डां तयार करपाक लायात आनी उपरांत त्या आदाराचेर भुरग्यांक काणी वा चारोळी तयार करुंनी.



## क्रिया 10: म्हाका भावना आसात

आमकां सगळ्यां भावना आसात आनी त्या भावनां सयत आमकां जगपाक शिकपाक जाय हें भुरग्यांक समजयात. उपरांत भुरग्यांक तोंडाचे हावभाव मुखार दिल्ल्या तोंडाच्या आकृत्यां वरवीं जुळोवंक आदार करात. अश्यो कांय कार्यावळी करात ज्यो तांकां तांच्या भावनां सयत जोडपाक आदाराच्यो थारतल्यो.



## क्रिया 11: निरोगी अन्न

निरोगी आनी रोगी अन्नाचेर भासाभास करात. भुरग्यांक पदार्थ वळखून ताचें नांव सांगपाक प्रोत्साहीत करात. दिसाक सादारणपणान भुरगीं कितें खातात तें विचारत. उपरांत भुरग्यांक पंगतींत आशिल्ल्या खाणां मदल्या निरोगी अन्न पदार्थांक वळखूंक तांचे भोंवतणी वर्तूळ करपाक लायात.


हाथी

## क्रिया 12: हांव जाणां आशिल्लीं जनावरां

भुरग्यांक तांणी तांचे भोंवतणी पळयल्ल्या वा जाणा आशिल्ल्या जनावरांचेर उलोवदी. भुरग्यांक त्या जनावरांक नांवा सयत वळखून तें नांव म्हणूनी. उपरांत भुरग्यांक त्या जनावराचेर मुखेल बोट दवरुन त्या जनावराच्या नावाचो सुरवातीचो उच्चार करपाक लायात. तांका हळडुव्या टिपक्या वेल्यान जनावराचो सोद घेवपाक लायात. उपरांत तेच दिकेच्या रेशेचो आदार घेवन तांबड्या टिपक्याचेर येवन सोपयात. भुरगीं टिपके जुळयता ह्या मजगतीं तांकां जनावरांचें खाणाचें निरीक्षण करपाक लायात आनी शिंवाक खावपाक कितें आवडटा हें तांका थरोवनी.

© NCERT not to be republished



**क्रिया 13:**

दिल्ल्या पंगतीतलीं चित्रां भुरग्यांक वळखूपाक लायात आनी दरेका चित्राक एक नांव दियात. जें चित्र अडेचें आसा ताचे भोवतणीं वर्तूळ करपाक लायात. तशेंच टिपक्या वळींच्या आदारान चित्र पुराय करात.



**क्रिया 14: ल्हान वा बारीक वस्तू**

भुरग्यांक ल्हान वा व्हड वस्तू वळखूंक येवंक जाय, जश्यो ल्हान वा व्हड सत्र्यो वा बॉल. उपरांत तांकां व्हड वस्तू तांबड्या रंगान जाल्यार ल्हान वस्तू आकाशी रंगान रंगोवपाक लायात.



**क्रिया 15: आकार जुळयात**

भुरग्यांक आकारां भोवतणी एक वळ काडून तो आकार सोदपाक प्रोत्साहीत करात. उपरांत तांचो आवडीचो रंगीत कागद त्या आकारा भितर चिकटोवपाक लायात.




**क्रिया 16: हांव जाणा आशिल्लीं जनावरां**

भुरग्यांक तांणी तांचे भोंवतणी पळयल्ल्या वा जाणा आशिल्ल्या जनावरांचेर उलोवदी. भुरग्यांक त्या जनावरांक नांवा सयत वळखून तें नांव म्हणूनी. उपरांत भुरग्यांक त्या जनावराचेर मुखेल बोट दवरुन त्या जनावराच्या नावाचो सुरवातीचो उच्चार करपाक लायात. तांका हळडुव्या टिपक्या वेल्यान जनावराचो सोद घेवपाक लायात. उपरांत तेच दिकेच्या रेशेचो आदार घेवन तांबड्या टिपक्याचेर येवन सोपयात. भुरगीं टिपके जुळयता ह्या मजगतीं तांकां जनावरांचें खाणाचें निरीक्षण करपाक लायात आनी शिंवाक खावपाक कितें आवडटा हें तांका थरोवनी.



**क्रिया 17: शाळेंत वचच्या पयलीं हांव करतां त्यो गजाली।**

भुरग्यांक चित्र पळोवन त्या चित्राक योग्य क्रमान आंकडो दिवनी. चित्रांत वर्णायली कृती तांका वळखुपाक लायात. निमाण्या बॉक्सांत तांकां तांच्या शाळेचें चित्र काडपाक लायात. तुमी भुरग्यांक दरेक चित्र कापूंक लावन योग्य त्या क्रमान लावन जुळयल्लें चित्र स्पश्ट करपाक लावचें.



**क्रिया 18: म्हजें आवडटें खाण**

भुरग्यांक तांच्या आवडीचें कवन हावभावा सयत म्हणपाक/ गावपाक लायात. तांच्या आवडट्या खाणा बद्दल उलोवन तें 18 आनी 19 नंबरच्या निरोगी अन्नाच्या कामपत्रका कडेन जुळयात. झाडां आमकां कसो आदार करतात, तांचे कडल्यान आमकां कसलें खाण मेळटा, आदी गजालींचेर उलयात.



**क्रिया 19: आकार रंगयात**

भुरग्यांक कामपत्रक समजयात. तांकां आकार आनी ताचें नांव वळखून दिल्ल्या सुचोवण्या प्रमाण तो रंगोवपाक लायात. सगळे त्रिकोण हळडुव्या, चौकोन पांचव्या आनी वर्तुळां आकाशी रंगान रंगयात.



### क्रिया 20: सुरक्षीत रावात

भुरग्यांक बरी आनी वायट परिस्थिती वळखूंक लायात आनी त्या परिस्थितींत तांणी कितें करपाक जाय हाचेर तांचे कडेन भासाभास करात. तांकां भंय दिसतलो अशें कांय करूं नाकात. दरेका भुरग्याक बऱ्यो



### क्रिया 21: वस्त सोदून फरका भोंवतणी वर्तूळ करात

भुरग्यांपी दोनूय चित्रांचें निरिक्षण करचें. दोगांय मदलो फरक सोदून काडपाक सांगात आनी दोनूय चित्रां मदल्यावफरकांक वर्तुळ करपाक सांगात. वेगवेगळ्या विशयांचेर भुरग्यां खातीर सारकेच कार्यपत्रक तयार करपाची तुमी तयारी करूं येता.



### क्रिया 22: आकार वळखून रंगयात

भुरग्यांक नमूनो पळोवंन तातूंत रंग भरूंक दिवचे. तांकां नमुन्याचें वर्णन करपाक प्रोत्साहान दिवचें. देखीक- सफरचंद-केळीं-सफरचंद-केळीं आनी परतून सफरचंद, आदी.



### क्रिया 23: आकारांच्या आदारान तयार करात

कार्यपत्रकाचेर कांय आकार काडिल्ले आसात. भुरग्यांक प्रोत्साहान दिवपाक ह्या आकारांचो उपेग करून आकृत्यो वा नमुने तयार करप. उपरांत तांकां तांच्या नमुन्यात वा आकृतेंत रंग भरपाक लावप.



### क्रिया 24: म्हजीं सर्जन वर्तूळां

कार्यपत्रीकेक स बाह्यवळी आसात, आनी भुरग्यांक तांच्या आवडी प्रमाण वर्तुळांचो वापर करून जायतें तयार करपाक प्रोत्साहीत करतात. एक वर्तूळ देख म्हूण दिल्लें आसा.



### क्रिया 25: म्हजे बावले (चित्र वाचन)

भुरग्यांक चित्र पळोवन नियाळुनी आनी उपरांत ताचेर उलोवंक लावचें. तुमी एका चित्राचेर आदारीत काणी तयार करपाक शकतात. भुरग्यांक ती सोदून बावल्याक नांव दिवंक लायात, ते मेजात आनी ते ज्या बावल्यांनी खेळटात तांकां नावां दियात, आदी. निशुल्क वस्तुंचो वा हे निसर्गीक गजालींचो वापर करून तांकां बावले तयार करपाक लायात.

© NCERT not to be republished

## क्रिया 26: म्हजें पत्रक

भुरग्यांक पोरण्या दिसाळ्यांतलीं वा नेमाळ्यांतलीं कुडीच्या नितळसाणे संबंधीत आवडीचीं चित्रां भुरग्यांची कातर घेवन कापूंक दिवचीं. तांका हीं सगळीं चित्रां दिल्ल्या चौकोनांत पत्रकाच्या रुपांत चिकटोवपाक लायात. भुरग्यांक त्या चित्राचेर कांय वळी तांचे खाशेले तरेन बरोवपाक लायात.



## क्रिया 27: म्हज्या भोंवतणचीं जनावरां आनी पक्षी

'चिरीप चिरीप पक्षी म्हणटा' ही कविता वर्गांत भुरग्यांक हावभाव करून म्हणपाक लायात. भुरग्यांक जनावरां आनी पक्षांचीं नावां आनी आवाज जोडीत रावन कवितेक जोडत वचपाक लायात. भुरग्यांक हाता लागीं मेळपी वस्तूंचो वापर करून जनावरां/ पक्षांचीं कार्डां/ पत्रकां तयार करपाक लायात आनी तांकां आपल्या खाशेल्या तरेन काणी घडोवंक उर्बा दियात.



## क्रिया 28: यमकेतर शब्द जुळयात:

भुरग्यांक चित्र नियाळुनी, ताका नांव दिवनी आनी वळींचो वापर करून चित्र आनी नांवांची योग्य जोडी जुळोवनी.



## क्रिया 29: यमक शब्द

भुरग्यांक चित्र नियाळुनी आनी चित्राक नांव दिवपाक शिकुनी, जेणे करून आपल्या नांवाचो नाद हेर नावां कडेन कशें जुळटा हें कळटलें. देखीक, फळ-नळ, जग-टब आदी. जर नावांचो नाद जुळटा, जाल्यार तांका हांसतें मुखामळ रंगोवपाक लायात. आनी जर नावांचो नाद जुळना, जाल्यार तांका दुखेस्त मुखामळ रंगोवपाक लायात.



## क्रिया 30: वस्तू मेजात (1-10 आंकडे)

भुरग्यांनी वस्तू बारीकसाणेन पळोवच्यो आनी उपरांत एकूण वस्तू मेजच्यो आनी चौकोनांत दिल्ल्या आंकड्या प्रमाण तांकां वर्तूळ करचें. देखीक, 10 रोटयांक वर्तूळ करात- जाल्यार भुरग्याक 10 रोटयांक वर्तूळ करचें पडटलें. अशे तरेन आदी.



## क्रिया 31: मेझ

भुरग्यांक तांच्या मुखेल बोटाच्या आदारान मेज चिरपाक लायात आनी सियाक ताच्या गायक गोठ्यांत व्हरपाक आदार करात. उपरांत एक जाड आकाराची पेन्सील घेवन, वळ काडून सियाक ताच्या गायक गोठ्यांत व्हरपाक आदार करात.

© NCERT not to be republished



## क्रिया 32: व्हड आनी ल्हान

भुरग्यांक कागद पिनून व्हड आकाराचे वस्तूचेर तांबडो जाल्यार ल्हान आकाराचे वस्तुचेर हळदुवे रंग चिकटोवपाक लायात.



## क्रिया 33: आकार पाळात

भुरग्यांक आकार पळोवंक लायात, वर्णन करात आनी दिल्ल्या जाग्यांत तेच तरेचो आकार काडपाक लायात.



## क्रिया 34 आनी 35: आकार काडून योग्य आंकड्या मेरेन पावात

भुरग्यांक मेजपाक दिवचें आनी बोटान मार्ग सोदून काडपाचो सराव करपाक लावचो. उपरांत दिल्ल्या जाग्यांत वळ काडून वर्तुळांचो योग्य आंकडो सोदपाक लावचो.



## क्रिया 36: कुसांकिडो पुराय करात

भुरग्यांक कुंसाकिडो पुराय करपाक दरेका भागांत आवश्यक वर्तुळां काडुनी. तुमी सराव करपाक अशेंच कार्यपत्रक दिवंक शकतात. देखीक: गाडयेक दिल्ले डब्यांची संख्या आदी.



## क्रिया 37: शिंव आनी हुंदीर

भुरग्यांक कार्डां दाखोवन काणी सांगात. काणी कित्या बद्दल आसा? काणी खंय घडटा? काणयेंत कसल्यो आडखळी येतात? चित्रांत तुमकां खंयची जनावरां दिश्टी पडटात? तुमी काणयेक वेगळो माथाळो दिवपाक शकतात? अशे प्रस्न विचारपाक लायात. उपरांत काणयेचीं कार्डां टिपक्या वळीं सयत कापपाक लायात (भुरग्यांची कातर वापरून) आनी योग्य मांडावळींत लायात आनी काणी आपल्या उतरांनी सांगपाक लावची.



## क्रिया 38: शिकारी आनी बगळो

भुरग्यांक कथा कार्डां वाचून चर्चा करपाक दिवची. कथा कितें? काणी खंय घडली? काणयेंत कितें आडखळ आशिल्ली? जाळ्यांतल्यान भायर सरपाक सुकण्यांनी कितें केलें काय? कार्डांत खंयचें सुकणें दाखयलां? तुमच्या थळाव्या वाठारांत दिसपी हेर सुकण्यांचे नांव सांगात आनी अशेंच मागीर भुरग्यांक दर एका कथा कार्डांतल्या पारव्यांचो आंकडो मेजपाक सांगात. भुरग्यांक कथा कार्डां कापपाक प्रोत्साहन दिवचें (भुरग्यांच्या वापराची कातर) आनी कथा कार्डां योग्य रितीन मांडची. क्रमवारीत करून काणी आपल्या उतरांनी परतून सांगपाक लावची. “एक चिडीया.. अनेक चिडीया” ह्या गिताची भुरग्यांक वळख करून दिवची.

© NCERT not to be republished



## क्रिया 39: योग्य आकार

भुरग्याक चित्रां वळखुपाक दिवचीं आनी तांकां ‘व्हड’, ‘मध्यम’ आनी ‘ल्हान’ अशें तांच्या आकारा प्रमाण लेबल लावचें. दिल्ल्या चित्रांचेर तुमी एक कथा तयार करूं येता वा भुरग्यांक एक काणी तयार करपाक दिवची जंय ते गणितीय उतरां वापरतात, देखीक व्हड- खूप व्हड- चड व्हड वा ल्हान-खूप ल्हान- चड ल्हान आदी. मागीर भुरग्यांक अनुकूल कातर वापरून भुरग्यांक बिंदू रेशींनी चित्रां कापून फावो त्या सुवातेर चिकटोवपाक दिवचीं, देखीक मध्यम आकाराची वाटी मध्यम बावली आशिल्ल्या सकयल्या सुवातेर चिकटोवपाक जाय.



## क्रिया 40: व्हड आनी ल्हान

दिल्ल्या जाग्या भितर भुरग्यांक व्हड आनी ल्हान आकार कापून चिकटोवपाक सांगात (दिसाळ्यांतल्यान, नेमाळ्यांतल्यान आदी.)



## क्रिया 41: लाल किल्लो

स्वातंत्र दिसा विशीं उलयतना आमचे राष्ट्रीय उत्सव आनी तांच्या म्हत्वा बद्दल सांगात. आमच्या भुरग्यांक राष्ट्रीय तिरंगो तशेंच लाल किल्लो रंगोवपाक लायात.



## क्रिया 42: हरां कडेन आदर

वर्तुळांत बसून आमी जनावरांक कशे तरेन बरी वागणूक दिवपाक शकतात हाचेर उलयात. आमी आमच्या वागपांतल्यान मनळाय दाखोवंक जाय. भुरग्यांक कविता हावभाव करून सांगपाक लायात. जनावरांचेर आशिल्ल्या काणयेचें वाचन करात. भुरग्यांक कागदाचें ‘नुस्तें’ करपाक लायात आनी दिल्ल्या जाग्यार चिकटोवपाक सांगात. भुरगीं नुस्त्याचें चित्र लेगीत काडपाक शकतात.




## क्रिया 43: पौश्टीक खाण

भुरग्यां कडेन स्वस्थ आनी अस्वस्थ खाण पध्दतींचेर चर्चा करात. भुरग्यांक दरेक खाण पदार्थ वचून नांव सांगपाक लायात. भुरग्यांक तीं दिसाक कितें खातात तें विचारात. उपरांत दरेका वळेरेंत दिल्ल्या पौश्टीक खाणा भोंवतणी वर्तूळ करपाक लायात.

© NCERT not to be republished



## क्रिया 44 आनी 45: खेळामळार (चित्र वाचन)

भुरग्यांनी खेळामळाचें चित्र पळोवंक लावचें आनी घडपी गजालींचेर उलोवचें. सृजनशील आनी विमर्शीक विचारांचे प्रस्न विचारपाक लायात. कांय देखी कार्यपत्रकांत दिल्यांत. भुरग्यांक लागसारच्या खेळामळार व्हरून तांकां खेळपाचो आनंद घेवंक दिवचो. तांकां पडिल्लीं पानां, फुलां आदी एकठांय करपाक सांगात आनी वर्गांत नमुनो तयार करपाचे शो आनी सांगपाचे उपक्रम करपाक सांगात. उपरांत भुरग्यांक मेळिल्लीं वस्तू/संग्रह वापरून पत्रक करपाक दिवचें आनी पानां, फुलां रंगोवपाचें काम दिवचें.



## क्रिया 46: म्हजे धा बोमाडे

मीना आनी रवी विशीं एक काणी तयार करात. एकदां दोगांयक रंगीत बोमाडे घेवन खेळपाची इत्सा कशी आशिल्ली तें सांगात. भुरग्यांनी काणयेंत भर घालची आनी काणयेक एक माथाळो दिवचो. मागीर तांकां बोमाडे मेजपाक सांगून तांकां रंग दिवपाक सांगात आनी मागीर दर एका बोमाड्या वांगडा एक बडी कशी काडून पयल्या बोमाड्यांचो गुच्छ मीनाच्या हातांत आनी दुसऱ्या बोमाड्याचो गुच्छ रवीच्या हातांत दिवपाक सांगात. निमाणें तांकां वट्ट बोमाडे मेजपाक सांगात आनी ती पेटयेर बरोवपाक लायात.



## क्रिया 47: मेजात आनी रंगयात

भुरग्यांक गाडयेच्या डब्यांची संख्या मेजपाक सांगात आनी दरेका क्रमांकाक दिल्ल्या रंगा प्रमाण तांकां डब्यांक रंग दिवपाक सांगात. आकड्यांचेर एक गीत गायात. भुरग्यांक रितीं फस्काच्यो पेटी वा जेवणाचीं आयदनां (वा हेर खंयचीय सहज उपलब्ध आनी खर्च नाशिल्ली) वापरून एक ल्हानशी रेल्वे करपाक आदार करात. भुरगीं गटांत काम करतात आनी तीं एकामेकां कडेन कशीं उलयतात आनी तांचें साहित्य वांटून घेतात हाचें निरिक्षण करचें. उलोवपा विशीं तुमी केन्ना रेल्वे प्रवासांत गेल्ले? तुमी खंय गेल्ले? तुमी आनीक खंयचे येरादारीचे प्रकार पळयल्यात? तुमकां भोंवपाक आवडटा काय, आदी.




## क्रिया 48: हांव म्हाका नितळ दवरतां

भुरग्यांक आपलें आंग निवळ दवरपाक वापरतात त्या वस्तूं विशीं उलोवंक दिवचें. बॉक्सांत दिल्ल्या सुचोवण्यां प्रमाण फावो त्यो वस्तू काडपाक प्रोत्साहन दिवचें आनी तांकां रंग दिवचो.

© NCERT not to be republished



## क्रिया 49: रस्तो सुरक्षा (चित्र वाचन)

रस्त्यार सुरक्षीत रावप खूब म्हत्वाचें हें भुरग्यांक समजून घेवपाक मदत करात. नेम आनी सुरक्षेची प्रक्रिया पाळपाक तांकां मार्गदर्शन करचें आनी रस्त्या कुशीक बरयल्ल्या चिन्नां विशीं चर्चा करची. मागीर तांकां तांच्या भोंवतणच्या वाठारांत, खास करून रस्त्या लागसार, सादारणपणान दिसपी चिन्नां सोदून काडपाक सांगात. सुरक्षीत आशिल्ल्या लोकांक बरोबर (√) मारपाक सांगात आनी असुरक्षित आशिल्ल्या लोकांक (×) करपाक सांगात.



## क्रिया 50: नितळ आंग

